**आंतरराष्ट्रीय चली भुरगे दिसा निमतान पोस्टर, रिल तयार करपाची सर्त**

ता. 4 ऑक्टोबर 2023

भलायकी सेवा संचालनालयावतीन 11 ऑक्टोबर 2023 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात "आंतरराष्ट्रीय चली भुरगे दीस" मनोवपात येतलो.

आंतरराष्ट्रीय चली भुरगे दीस कार्यावळीचो एक भाग म्हूण संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान रिल तयार करप आनी पोस्टर सर्तीचे आयोजन केला. रिल तयार करपाच्या सर्तीचो विशय " आमचें बाय"/" हमारी बेटी"/" आमची मुलगी"/" Our Daughter" असो आसा आनी ह्या सर्तीत 20 वर्सां पिराये वयले नागरिक वाटो घेवपाक शकता. रिल # Amche bai सयत फेसबुक/इन्स्टाग्रामाचेर अपलोड करपाक जाय तशेंच pcpndtstate.goa@gov.in चेर ई-मेल करपाक जाय. प्रवेशीका 6 ऑक्टोबर मेरेन धाडपाक जाय.

पोस्टर डिजायनिंग (डिजिटल व्हर्शन) सर्तीत उच्च माध्यमिक आनी म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यी वाटो घेवपाक शकतात. " बेटी बचावो, बेटी पढावो " असो पोस्टर सर्तीचो विशय आसा. पोस्टर # Amche bai सयत फेसबुक/इन्स्टाग्रामाचेर अपलोड करपाक जाय तशेंच pcpndtstate.goa@gov.in चेर ई-मेल करपाक जाय. सर्तीचो निकाल 9 ऑक्टोबराक जाहीर करतले.

सर्तीच्या जैतवंतांक 11 ऑक्टोबर 2023 दिसा "आंतरराष्ट्रीय चली भुरगे दीस" कार्यक्रमात मानेस्तांच्या हस्तुकीं रोख इनाम आनी प्रशस्तीपत्र भेटोवपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/773

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.